Akashwani Panaji national news 8.40 am 16th may 2026

* देशातल्या नागरिकांखातीर 'व्यवसाय सुलभता' (Ease of Doing Business) आणि 'जीण सुलभता' (Ease of Living) वाडोवपाखातीर सरकार बांदिल्ले आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळा.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल रातीं उसरां नेदर्लंड्सांत पावले.

* केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी सिक्किमांतल्या लोकांक तांच्या राज्य घटक दिसा निमतान परबीं दिल्यांत.

* पेट्रोलाचे निर्यातीचेर सरकारान दर लिटराक ₹3 ‘खास अतिरिक्त अबकारी कर’ लायला

आता पुराय खबरो

प्रधानमंत्री - 65

देशातल्या नागरिकांखातीर 'व्यवसाय सुलभता' आणि 'जीण सुलभता' वाडोवपाखातीर सरकार बांदिल्ले आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळा. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी परकी प्रवासाचेर खंयचोय सेस, कर वा अधिभार लादपा संबंदी खबरां संस्थांच्या अहवालाचे खंडन केला. हो अहवाल पुरायपणान खोटो आनी हातुंत कायच तथ्य नाशिल्ल्याचे स्पष्ट केला. विदेशी प्रवासाचेर अशे निर्बंध घालपाचो प्रस्नच उप्रासना अशें प्रधानमंत्र्यानी फुडें नदरेक हाडलें.

संरक्षण मंत्री

केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आंध्र प्रदेशांतल्या पुट्टापार्थीत प्रगत मध्यम झुजारी विमान कार्यावळीच्या सुविधेचो बुन्यादि फातर बसयलो. नव्यान सुरू केल्ल्या संरक्षण प्रकल्पांक लागून राश्ट्रीय सुरक्षा घटमूट जातली, उद्देगीक उदरगतीक गती मेळटली आनी तरणाट्यांक व्हड प्रमाणांत रोजगाराची संद मेळटली अशें तांणी सांगलें. Rajnath

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल रातीं उसरां नेदर्लंड्सांत पावले. युरोपीय राश्ट्रां कडेन भारताचे रणनिती आनी अर्थीक संबंद आनीक घटमूट करपाच्या हेतान आयोजीत केल्ल्या ताच्या पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेचो हो दुसरो पांवडो. अँम्स्टरडॅम विमानतळार पावतकच प्रधानमंत्री मोदी हाँका नेदर्लंडसाचे विदेश वेव्हार मंत्री टॉम बेरेंडसन हाणी येवकार दिलो. प्रधानमंत्री मोदी संयुक्त अरब अमीरातांत थोडो वेळ थांबून नेदर्लंड्सांत पावले; ह्या वेळार ताणी अबू धाबींत युएईचे राष्ट्राध्यक्ष मोहम्मद बिन जायद अल नहयान हांचे कडेन चर्चा केली.हेग हांगाच्या एका हॉटेलांत भारतीय समुदायान सादर केल्ल्या सांस्कृतीक आनी संगीत कार्यावळींवरवी प्रधानमंत्र्यांक भव्य येवकार मेळ्ळो. नेदर्लंड्सांतल्या लश्करी पंगडांनीय तांका विधीपुर्वक मानवंदना दिली.हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी, नेदर्लंडसाचे प्रधानमंत्री रॉब जेटन हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले. हे भोंवडेचें म्हत्व फकत द्विपक्षीय संबंदांपुरते मर्यादीत ना जाल्यार हालींच जाल्ल्या ‘भारत-युरोप मुक्त वेपार करार’ च्या फाटभुंयेर ही भेट भारत-युरोपीय संघाच्या व्यापक संबंदांक नवी दिका दितली अशी आस्त आसा. शेनवारा प्रधानमंत्री मोदी भारतीय समुदायाक मार्गदर्शन करतले आनी नेदर्लंड्सांतल्या मुखेल कंपनींच्या मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यां कडेन बसका घेतले. semiconductor चिप्स आनी कृतीम बुद्धिमता मळार जायत्यो म्हत्वाच्यो कबलाती जावपाची आस्त आसा. ह्या दोन क्षेत्रांत नेदर्लंड्स संवसारीक फुडारी आसा. नेदर्लंड्साची

भेट सोंपतकच प्रधानमंत्री मोदी फाल्यां पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या तिसऱ्या पावंड्यार स्वीडनांतल्या गोटेनबर्गाक वतले. थंय ते स्विडीश प्रधानमंत्री उल्फ क्रिस्टरसन हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले.

Shah 50

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी सिक्किमांतल्या लोकांक तांच्या राज्य घटक  दिसा निमतान परबीं दिल्यांत. सोशल मिडिया पोस्टांत संवसारांतलें पयलें पुरायपणान ऑर्गेनिक राज्य जावपा सावन दोंगरी पर्यटनाची नवी व्याख्या करपा मेरेन सिक्किमाचीं कामगिरी पुराय राष्ट्राक प्रेरणा दिता.राज्यात वैभव उरचो आनी नव्या उंचायेर पावपाक चड यश मेळचे अशी आस ताणी बाळगिल्या .

पेट्रोल

पेट्रोलाचे निर्यातीचेर सरकारान दर लिटराक ₹3 ‘खास अतिरिक्त अबकारी कर’ लायला. अर्थ मंत्रालयान काल जारी केल्ल्या अधिकृत राजपत्र अधिसुचोवण्यां प्रमाण डिझेल निर्यातीचेर खाशेलो अतिरिक्त अबकारी कर दर लिटराक 23 रुपया वयल्यान 16.50 रुपया मेरेन उणो केला. तशेंच विमान टर्बाइन इंधनाचेर (एटीएफ) खाशेलो अतिरिक्त अबकारी कर दर लिटराक ₹33 वयल्यान ₹16 मेरेन उणो केला. आयच्यान सुरू जावपी पखवाड्या खातीर हे सुदारीत दर लागू उरतले. घरगुती वापरा खातीर आशिल्ल्या पेट्रोल आनी डिझेलाचेर सध्याच्या अबकारी कर दरांत कसलोच बदल जावंक ना.

educ

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळान 12 व्या वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर निकाला उपरांत जाहीर करपाच्यो सुविधा सांगपी अदिसुचोवणी जारी करून पारदर्शक मूल्यमापन प्रक्रियेची आपली वचनबद्धताय दाखयल्या.अधीसुचोव्नेत, निकाला विशीं असंतुश्ट विद्यार्थ्यांक दोन पांवड्यात नियाळ पद्दतीचो लाव घेवंक मेळटलो अशे सांगला . पयल्या पांवड्यार विद्यार्थ्यांनी तांच्या मूल्यमापन केल्ल्य जाप्यान्चेर ऑनलायन अर्ज करूं येता.दुसऱ्या पांवड्यार विद्यार्थ्यांनी विसंगतीचें सत्यापन मागूं येता वा गूण येवजणेचेर आदारीत विशिश्ट जापांचें परतून मूल्यमापन करपाची मागणी करूं येता. स्कॅन केल्ल्या प्रतीं खातीर ह्या म्हयन्याच्या 19 ते 22 मेरेन ऑनलायन अर्ज सादर करपाक मेळटात अशें सीबीएसईन सांगलें, दर विशयाक 700 रुपया शुल्क भरून. सत्यापन आनी पुनर्मूल्यांकन करपा खातीर अर्ज ह्या म्हयन्याच्या 26 ते 29 तारखे मदीं सादर करूं येतात.

शिक्षण मंत्री

विद्यारर्थी हे सरकाराचें प्राधान्य आसा आनी तांच्या समस्यां कडेन सरकार संवेदनशील आसा अशें शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना ताणी सांगलें राष्ट्रीय चांचणी संस्थेने वैजकीय प्रवेश परिक्षा नीट-यूजी 2026 21 जून दिसा परतून घेवपाची घोशणा केल्या. mafia
एनटीएंत व्हड प्रमाणांत सुदारणा करपाची गरज आसा फुडाराक कसलीच अनियमितताय येवची न्हय म्हणून परिक्षा वेवस्था घटमूट करपा खातीर पावलां उबारतले अशें तांणी सांगलें. omr

Chauhan

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी, भारतांतलो खंयचोच गरीब मनीस कायम घरा बगर उरचो ना, सगळ्यां खातीर घरां दिवप हो केंद्र सरकाराचो मुखेल हेत आसा अशे तांणी सांगलां. महाराष्ट्रांतल्या सातारा हांगा पुराय जाल्ल्या घरांचें उक्तावण आनी महा आवास अभियाना खाला राज्य पांवड्यावेल्या पुरस्कार सुवाळ्या उपरांत मंत्री चौहान सभाघरांक मार्गदर्शन करताले. प्रधानमंत्री आवास येवजण-ग्रामीन खाला एका वर्सा भितर 30 लाख घरांचो लक्ष्य महाराष्ट्राक दिल्लो आसा अशें तांणी सांगलें. तशेंच चौहान हांणी , वीज बिलां शून्य करपा खातीर दरेका घराक सौर उर्जा दिवपाचो सरकाराचो हेत आसा आनी घरां पुराय जावपाचे तशेंच जमनी नाशिल्ल्या लावाथ्र्यांक एक लाख रुपयांची अर्थीक मजत दिवपाची तोखणाय तांणी केली. बायलां सशक्तीकरणाचेर भर दितना तांणी , देशांतली तीन कोटी बायलो “लखपती दीदीस” जाल्यात आनी आतां लक्ष्य स कोटी मेरेन वाडयलां.

war

वॉशिंग्टनांत उलोवणी जाले उपरांत इझ्राएल आनी लेबनान हांणी आपलो युद्धविरामात 45 दिसांचो वाड करपाक मान्यताय दिल्या अशें अमेरिकेच्या विदेश खात्यान सांगलें. दोन उत्पादक दिसांच्या उलोवपा उपरांत ही गजाल घडल्या, आनी ताचे उपरांत 2-3 जून मेरेन आनीक वाटाघाटी जातली अशें विदेश खात्याचे प्रवक्ते टॉमी पिगोट हांणी सांगलें.

Announcement

आकाशवाणी आल्तिन पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा. अधिक म्हायती खातीर rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज झारखंड, मध्य प्रदेश, राजस्थान, उत्तर प्रदेश आनी विदर्भात उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला . कोंकण आनी गोयांत उश्ण आनी दमट हवामानाचोय अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत आयज उटानगराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा.

Sports

ipl क्रिकेट सर्तींत आयज सांजे कोलकाता ईडन गार्डन्सांत कोलकाता नाइट रायडर्स आनी गुजरात टायटन्स ह्या दोन पंगडा मदि सांजवेळा 07:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली

परतून एक फावत आयचो मुखेल खबरो

* देशातल्या नागरिकांखातीर 'व्यवसाय सुलभता' (Ease of Doing Business) आणि 'जीण सुलभता' (Ease of Living) वाडोवपाखातीर सरकार बांदिल्ले आसा अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळा.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल रातीं उसरां नेदर्लंड्सांत पावले.

* केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी सिक्किमांतल्या लोकांक तांच्या राज्य घटक दिसा निमतान परबीं दिल्यांत.

* पेट्रोलाचे निर्यातीचेर सरकारान दर लिटराक ₹3 ‘खास अतिरिक्त अबकारी कर’ लायला

आनी ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. मुखवले राष्ट्रीय खबरपात्र तुमका आयज सांजे ६ वर ३० मिनिटांनी आयकूंक मेळटाले नमस्कार